## ग्रंथपाल दीस मनयलो

## ग्रंथालय चळवळ मजबूत करपा खातीर एकजूटीन यत्न करूया-श्री. गावडे

ता. 9 ऑगस्ट 2019
18 श्रावण 1941

आयज पाटो-पणजेच्या संस्कृती भवनातल्या मल्टिपर्पज सभाघरात कृष्णदास श्यामा गोंय राज्य मध्यवर्ती ग्रंथालयान आयोजीत कार्यक्रमात ग्रंथपाल दीस मनयलो. ग्रंथपाल दिसानिमतान पुस्तकांचे विमाचन जाले तशेंच राज्यातल्या ग्रंथपालांनी पेपर सादर केले.

कला आनी संस्कृती मंत्री श्री. गाविंद गावडे कार्यक्रमाक मुखेल सोयरे म्हुण हजर आशिल्ले. तशेंच कला आनी संस्कृती सचिव श्री. सी. आर. गर्ग, कला आनी संस्कृती संचालक श्री. गुरूदास पिळर्णेकर, मध्यवर्ती ग्रंथालयाचे क्युरेटर डॉ. कार्लोस फर्नांडिस आनी वरिश्ठ ग्रंथपाल श्रीमती समीक्षा कोळमुळे हांचीय कार्यक्रमाक उपस्थिती आशिल्ली.

ह्या वेळार उलयतना श्री. गावडे हांणी, राज्यात ग्रंथालय चळवळ मजबूत करपा खातीर ग्रंथपाल आनी ग्रंथालय कर्मचाऱ्यांनी एकजूटीन आनी समर्पितपणान काम करपाची मागणी केली. तुमच्या कामातल्यान कोणाची तरी जीण समृध्द जाता पूण तुमकां तांची जाणीव नासता. ग्रंथपाल मनशाखातीर गिन्नानाची दारा उकती करता आनी अशा गिन्नानातल्यान ताका योग्य मार्ग मेळटा. पुस्तकां ही आमची मित्र आनी आमी तांचे नेमान वाचन करपाक जाय आनी ग्रंथालय चळवळ मजबूत करपाक हातभार लावपाक जाय, अशेंय कला आनी संस्कृती मंत्र्यान सांगलें.

ह्या वेळार मंत्र्याहस्तूकीं वर्सूकी 2018-19, रूजवण तियात्र, गोवन ऑब्जर्वराचे पाखळ्यो- लेखमाळ, कुर्पणे, यादीतले गोंय, ग्रंथालय कायदो 1993 अशा कोंकणी आनी मराठी पूस्तकांचे विमोचन जाले. तशेंच ह्या वेळार मंत्र्याहस्तूकीं ग्रंथालयाचे सुरक्षा कर्मचारी श्री. नामदेव गोकर्णेकर, देवदत्त काणकोणकर, दशरथ सावर्डेकर आनी दिपक गावस हांचो सत्कार केलो.

सुरवेक डॉ. कार्लोस फर्नांडिस हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. श्री. पिळर्णेकर हांणी ग्रंथालय आनी म्हायती विज्ञान परिशद-2019 विशयी म्हायती दिली.

श्री. गर्ग हांचेय ह्या वेळार उलवप जाले. श्री. प्रदीप नाईक हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले. तर श्रीमती कोळमूळे हांणी निमणे उपकार मानले.

मा/वाप/एमएस/जॉआ/विगां/प्रधु/2019/484